आकाशवाणी पणजीच्या

27/01/2025

7.20 pm

मुखेल खबरो----

१ लोकशाय वेवस्थेत जनताच सर्वश्रेश्ठ आसताअशें गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हळा

२ प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला देशाच्या उदरगतीची वाटचाल नेटान चालू आसा अशें पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हळा

३ गोंय विद्यापिठाचे कुलसचीव म्हणून डॉ. सुंदर नारायण धुरी हांची नेमणूक केल्या

४ उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन विज्ञानधारा २०२५ ह्या कार्यावळीखाला राज्यातल्या साबार शाळांनी व्याख्यानमाळ सुरू जाल्या

------------

Dip 200

लोकशाय वेवस्थेत जनताच सर्वश्रेश्ठ आसता. लोकशाय वेवस्थेचो फुडार लोकांच्या हातांत आसता. जनता आपल्या फुडाराचो स्वता निर्णय घेता आनी आपलो प्रतिनिधी निवडून हाडटात, अशें गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हळा. मुख्य वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान , एनआयओ दोनापावला हांगा शेनवारा आयोजीत 15 व्या राष्ट्रीय मतदांर दीस कार्यक्रमात ते उलयताले स्वताचे संविधान

तयार करपा वांगडाच लोकशाय संसदीय वेवस्था अमलात हाडली आनी भारत सार्वभौम आनी लोकशाय राष्ट्र जाले. ते उपरांत देशान खुपशो वेंचणूको यसस्वी केल्यो, आयज भारत संवसारांतली व्हड लोकशाय वेवस्था आसा, अशें तांणी सांगलें.

वेंचणूक प्रक्रियेत नागरिकांचो सहभाग वाडोवपा खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगाचे प्रयत्न आसता. नागरिकांचे मतदान हक्क आनी वेंचणूक प्रक्रियेविशीं जागृताय करपा खातीर आयोगा वतीन खुपशे कार्यक्रम आयोजीत करतात. वेंचणूक प्रक्रियेतलो नागरिकांचो सहभाग आनी संबंदीत यंत्रणांच्या प्रयत्नांक लागून आयज आमची लोकशाय मजबूत जाल्ली आसा, अशें राज्यपालान सांगलें.

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू हांणीय आपल्या उलोवपात मुक्त आनी न्याय्य वातावरणात वेंचणूक प्रक्रिया पुर्ण करपा खातीर वेंचणूक आयोगा कडल्यान जावपी प्रयत्नांची तोखणाय केली.

ह्या वेळार राज्यपाला हस्तुकीं वेंचणूक प्रक्रियेत समर्पित भावनेन सेवा करपी अधिकाऱ्यांचो सत्कार केलो. तशेंच राज्य वेंचणूक आयोगान आयोजीत केल्ल्या विंगड विंगड सर्तीच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली.

उत्तर गोंय जिल्होधिकारी डॉ. स्नेहा गीते, सहाय्यक जिल्हाधिकारी पल्लवी मिश्रा, राज्य वेंचणूक आयुक्त दौलत हवालदार, उपजिल्हाधिकारी मयंक

च्यारी, डीआरडीए प्रकल्प संचालक दिपाली नाईक आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

Dip 200

भारतीय संविधानाचे शिल्पकार डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांच्या योगदानाचो उगडास करून पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी देशाच्या संविधानाप्रती समर्पित जावप प्रत्येक नागरिकाची जापसालदारकी आशिल्ल्याचें सांगलें. खंवटे म्हापसा हांगा ओयाजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयल्या उपरांत उलयताले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला देशाच्या उदरगतीची वाटचाल नेटान चालू आसा. तशेंच गोंय राज्य लेगीत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या सक्षम फुडारपणाखाला प्रगतीच्या मळार नेटान पावलां मारता. गोंय हे सैमिक सोबितकाय आनी समृध्द कला-संस्कृतीचे दायज लाभिल्ले राज्य आसून गोंयचे लोक आदरान आनी शांतीकायेन रावपी आसात अशे खंवटे हांणी सांगलें

राज्य सरकारान तरणाटे, बायलां, शेतकार आनी गरीब लोकांच्या कल्याणा खातीर येवजणो चालीक लायल्यात. पर्यटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेक योगदान दिवपी म्हत्वाचो वेवसाय आसून ह्या क्षेत्रांत आवश्यक साधनसुविधां निर्माण करून राज्यांत भेट दिवपी पर्यटकांक बऱ्यो सुविधा दिवपाचो तशेंच युवकांक ह्या क्षेत्रांत रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध करून दिवपाक सरकार प्रयत्न करता, अशें तांणी सांगलें.

सरकार राज्यांत पारंपरीक उत्सवांक प्रोत्साहन दिता. अनेक पर्यटन थळांच्या विकासाची कामा सरकारान सुरू केल्ली आसात. फर्मागुडी फोंडा हांगा छत्रपती शिवाजी महाराज वस्तुसंग्रहालय उभारपाचो सरकारचो विचार आसा, अशें तांणी सांगलें.

सरकारान हालीच पोरण्या गोंया सेंट फ्रांसिस झेव्हियर पवित्र शव दर्शन सुवाळ्याचे यशस्वी आयोजन केले, अशेंय तांणी सांगलें. खंवटे हांणी राज्य आनी लोकांच्या विकासा खातीर कल्याणकारी येवजणो आनी प्रकल्प हातांत घेवपा खातीर लोकांनी सरकारच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाचोय उलो मारलो.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक अतिरिक्त जिल्हाधिकारी पुंडलीक खोर्जुवेकर, उपजिल्हाधिकारी श्रीमती वर्षा परब, उपजिल्हाधिकारी-2 पांडुरंग गाड, मामलेदार अनंत मळीक, हेर सरकारी अधिकारी आनी नागरिक हजर आशिल्लें.

Dip 170

नवी दिल्लीत कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन प्रदर्शीत गोंयच्या चित्ररथाचे सादरीकरण जाले. स्वर्णिम भारत, विरासत और विकास म्हळ्यार सुवर्ण भारत, वारसो आनी विकास, ह्या संकल्पने वयल्या गोंयच्या चित्ररथा वरवीं संगीत आनी

नाचाच्या सादरीकरणवरवीं राज्याचो सांस्कृतीक वारसो आनी प्रगतीचे दर्शन घडयले.

राज्यातल्या कलात्मक वारशाचे प्रदर्शन करपी कावी रंग कलेतली देवळाची दर्शनी आकृती, पवित्र दिवजां परंपरा आनी संस्कृती, इतिहासीक आग्वाद किल्ल्या वयल्या दीपघराचो देखावो, गोंयच्या पर्यटन थळांचे दर्शन घडोवपी साहस पर्यटन, उदका खेळ, जलसफर, पॅरासेलिंग, व्हिंडसर्फिंग, स्कुबा डायव्हिंग आनी कला-संस्कृतीचे दर्शन घडोवपी देखावो सादर केलो.

गोंयचो चित्ररथ वारखंडे फोंडेचे नामनेचे सुशांत खेडेकर हांच्या संकल्पनेतल्यान तयार केल्लो. चित्ररथा खातीर संगीत डॉ. साईश देशपांडे हांणी दिले. दिनेश प्रियोळकार हांच्या फुडारपणा खाला गोंयच्या कलाकारांनी नृत्य सादरीकरण केले. नृत्यदिग्दर्शन निषाद हांणी केल्ले. वेशभुशा संगीता आनी अवनी खेडेकार हांणी केल्ली.

ह्या वर्सा कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनात केंद्रीय मंत्रालयांसयत 16 राज्यां आनी संघप्रदेशांनी सादर केल्ल्या चित्ररथां वरवीं आपली सामाजीक परंपरा, संस्कृती, इतिहासीक वारसो, अर्थवेवस्था आनी तंत्रज्ञानाचेर प्रदर्शन केले.

कर्तव्यपथा वयल्या संचलना उपरांत गोंयचो चित्ररथ  लाल किल्ल्याचेर 26 ते 31 जानेवारी मेरेन आयोजीत भारत पर्व सुवाळ्यात  प्रदर्शीत केल्लो आसतलो.

Ganesh 125

गोंय विद्यापिठाचे कुलसचीव म्हणून डॉ. सुंदर नारायण धुरी हांची नेमणूक केल्या. ह्या पदाची पुराय प्रक्रिया जाले उपरांत राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणीय डॉ. धुरीच्या नांवाक पसंती दिल्ली. आयज ताची अधिकृतपणान घोशणा केल्या. डॉ. धुरी हे सत्तरीचे पूत जावन आसा.

कुलसचीव पदावेल्यान आपणाक मुक्त करचे अशी मागणी प्रा. व्ही. एस नाडकर्णी हांणी गोंय विद्यापिठां कडेन केल्ली. पूण नव्या कुलसचीवाची नेमणूक जाय मेरेन तांकांच तें पद सांबाळपाक सांगलें. ह्या पदाची जायरात विद्यापिठान 15 नोव्हेंबर 2024 दिसा दिल्ली. 16 डिसेंबर 2024 मेरेन अर्ज मागयल्ले. जायत्या जाणांनी अर्ज केल्ले. छाननी प्रक्रियेंतल्यान आयिल्ल्या नांवांतल्यान डॉ. धुरी हांची निमाणी निवड केली. कुलगुरू हरिलाल मेनन हांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ले समितीन ही निवड केल्या. कुलपती ह्या नात्यान राज्यपालानय ताका मान्यताय दिली. ह्या पदाची मुजत सुरवेक 5 वर्सां खातीर आसता, तातूंत वाड जावपाची शक्यताय आसा.

DIP 60

भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर जांणी आपल्या जीणेचो त्याग केलो तांच्या उगडासाक ता. 30 जानेवारीक सकाळी 10.40 वरांचेर पणजेच्या आझाद मैदाना वयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपतले. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकर आनी हेर मानेस्त हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून हुतात्म्यांक आर्गां ओपतले. गृह खात्यान सगळ्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी नगरिकांक कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाची विनंती केल्या.

Dip 65

गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी जेष्ठ स्वातंत्र्यसैनिक लिबीया लोबो सरदेसाय हांच्या पणजेतल्या घरा भेट दिवन तांकां पद्मश्री पुरस्कार फावो जाल्ल्या बद्दल तांचे अभिनंदन केले. गोंयच्या मुक्ती चळवळींत सहभागी जावपाचे धाडस केल्ले खातीर राज्यपालान सरदेसाय हांची तोखणाय केली. कठीण प्रसंगाक तोंड दिवन सरदेसाय हांणी गोंय मुक्ती खातीर योगदान दिले, अशें राज्यपालान म्हणले. लिबीया लोबो सरदेसाय हांणी आपल्या घरा भेट दिवन आपले अभिनंदन केल्ले खातीर राज्यपालांचे उपकार मानले.

Subhash 65

उच्च शिक्षण संचालनालवान घडोवन हाडिल्ल्या विज्ञानधारा २०२५ ह्या कार्यावळीखाला राज्यातल्या साबार शाळांनी व्याख्यानमाळ सुरू जाल्या. माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांक विज्ञान विषयाकडे आकर्शित करपाच्या हेतान ही व्याख्यान कार्यावळ दर वर्सा आयोजीत करतात. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण बहुशाखीय शिक्षणाचो विस्तार करपाची मोख पुराय करपाक ही व्याख्यान माळ उपेगी थारता. राज्यभरांतल्या माध्यमिक शाळांनी विज्ञान विशयक ९५ सत्रां जातली अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या विज्ञानधारा २०२५ आयोजन समितीन दिल्या.

PIB 75

राष्ट्रीय नाटक शाळा (एनएसडी) आपलो मुखेल आंतरराष्ट्रीय नाट्य महोत्सव भारत रंग महोत्सव (बीआरएम) गोंयांत 29 जानेवारी 2025 ते 1 फेब्रुवारी 2025 मेरेन घडोवन हाडटा.29 जानेवारी 2025 दिसा सांजवेळा 6:00 वरांचेर मास्टर दीनानाथ मंगेशकर कला मंदिर, कला अकादमी, पणजी हांगा जावपी उक्तावण सुवाळ्यांत गोंयचें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत मुखेल सोयर आसतल. गोंयच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सहकार्यान गोंयांतल्या चार दिसांच्या महोत्सवांत कला अकादेमींत चार नाटकां सादर जातलीं, तातूंत गिरीश कर्नाड हांचें ‘नागमंडल’ नाटक हें उक्तावणचें नाटक आसतलें.

DIP 90

गोंय ओव्हरसीज रोजगार एजन्सीन कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाच्या जोड पालवान 29 जानेवारीक सकाळी 11.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन उद्देगीक प्रशिक्षण संस्था, आल्तिन्हो पणजी हांगा रचणूक आनी जतनाय तंत्रज्ञान विशयाचेर (Framing and Preservation Techniques) कार्यशाळेचें आयोजन केला.

फ्रान्स देशाची नागरीक आनी रचणूक/ जतनाय तंत्रज्ञान तंज्ञ नाथालिया सोफिया स्ट्राटा ही कार्यशाळा घेतली. ही कार्यशाळा खास गोंयच्या युवकांखातीर आसून कार्यशाळेंत कलाकृतीं, दस्तावेज, आदी वस्तुंची रचणूक आनी जतनाय करपा संबंदीत पारंपरीक आनी समकालीन कुशळटाय शिकयतले. रचणूक आनी जतनाय पद्दती खेरीज सामानाची निवड/ हाताळणी, प्रतिबंधात्मक जतनाय, जतनायेची यंत्रणां आनी युरोपीयन रचणूक दर्जो हे विशीं मार्गदर्शन करतले.

Prasad 200

गोवा शिपयार्डच्या जोडपालवान लायन्स क्लब ऑफ फोंडा, हांच्या जोडपालवान फोंडा तालुक्यांतल्या महाविद्यालयीन विद्यार्थी आणि शिक्षकां खातीर 3 दिसांचो प्रमाणीत ‘वरिश्ठ पयली’ मदत प्रशिक्षण कार्यावळ आयोजित केल्या. ही कर्यावळ फर्मागुडी फोंडाच्या राजाराम आणि ताराबाई बांदेकर फार्मसी महाविद्यालय सभागृहात सुरु आसा. हें शिबिरांत वेगवेगळीं प्राथमिक मदत पद्दती तशेंच तंत्रीक पद्दतीन आपत्कालीन स्थितींत खंयच्यो सेवा दिवच्यो हें शिकयतले. नामनेचो

प्रशिक्षक डॉ.जॉर्सन फर्नांडीस ह्या शिबिराचे मुखेल प्रशिक्षक आसा. ह्या शिबिरांत सहभागी प्रशिक्षणार्थ्यांक वेगवेगळीं पयली मदत उपचार पद्दती आनी आपत्कालीन सेवा ते दाखयतले. उद्घाटन सुवाळ्यात पी ई एस शिक्षण संस्थेचे सचिव तसेच फोंडा नगरपालिकेचे नगरसेवक रितेश रवी नाईक, मुखेलं सोयरेम्हूण हाजिर आशिले. तेसेच गोंय शिपयार्डाचे मुखेल वैजकी अधिकारी डॉ वेदपाल तारी, लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष मनीष धारेश्वर आनी ह्या मुख्य प्रशिक्षक डॉक्टर जॉरसन फर्नांडिस हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना डॉ. वेदपाल तारी हाणी ह्या शिबिरांत तालुक्याच्या सुमार 56 विद्यार्थी आणि शिक्षकांनी वांटो घेतला आनी अशें तांणी सांगलें. गोवा शिपयार्ड आनी लायन्स क्लब ऑफ फोंडाच्या सहकारान आतां मेरेन जायते समाजीक उपेगी प्रकल्प चांलीक लायलयात आनी अशा कार्यावळीं वरवीं समाजीक वचनबद्धताय तिगोवन दवरतनाच ह्यो संस्था आणीबाणीच्या वेळार देश सेवेखातिर मदत करपी प्रशिक्षकाक तयार करपाच्या वावरांतय देशाक उपेगी काम करतात अशेंय तानी सांगलें.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर.